Panaji

प्रादेशिक खबरो

१३.११.२०२५ @ ७.२०pm

- प्रोजेक्ट चीता अंतर्गत बोत्सवानान भारताक चित्ते प्रतिकात्मक देणगी म्हणून दिले
- मुख्यमंत्री स्वयं रोजगर येवजण (MSRY) ही मुखेल येवजण सरकारान अधिकृतपणान सुरू केल्या.
- राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसानिमतान 17 नोव्हेंबराक इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यावळीचे आयोजन केला.
- द फेस्टिवल मॅन ऑफ गोवा', 'ह्या नांवान वळख आशिल्ल्या फेस्टिवल निर्माता मारियस फर्नांडीस प्रायोगिक डॉक्यू-मॉंटेज फिल्म मेराकी, बाय द सी 56व्या आंतरराष्ट्रीय फिल्म फेस्टिवल म्हल्यार इफ्फित गोंय विभागांत अधिकृतपणान वेंचून काडलया

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचेकडे प्रोजेक्ट चीता अंतर्गत भारतात स्थलांतरित करपाक बोत्सवानान भारताक चित्ते प्रतिकात्मक देणगी म्हणून दिल्यात.

राष्ट्रीय शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण संस्थेच्या तकनिकी शिक्षण फाटयांन फाल्यां आनी परां म्हळयार १४ आनी १५ नोव्हेंबर अशे दोन दीस पालक आनी शिक्षकां खातीर कृत्रीम बुद्धीमत्ता ह्या विषयाचेर ऑनलाइन सत्र आयोजित केलां. कृत्रीम बुद्धीमत्तेचो दिसपट्टो वापर आनी ते संबंधी भुरग्यानी घेवपाची काळजी हे विशी ह्या ऑनलाइन कार्यावळीत मार्गदर्शन करतले. ही कार्यावळ सगल्या विद्यार्थ्यांनी, पालकांनी आनी शिक्षकांनी चुकोवची न्हय अशे गोवा शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण संस्थे संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी कळीत केला. NCERT OFFICIAL ह्या यूट्यूब चेनलाचेर १४ आनी १५ नोव्हेंबराक दनपरां ११ ते १२ मजगती ही कार्यावळ थेट प्रक्षेपित जातली.

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान गोंयांत जावपी 56 व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या फाटभुंयेर इफ्फीचे कार्यक्रम जावपी पणजी आनी कुठ्ठाळी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दीतल्या थळांसावन सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांतलो खंयचोय भौशीक

सुवात, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या सुवाताचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या. कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंत्यविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांच्या मताप्रमाण मान्य  प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी,  कडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना. हो आदेश 19 ते 28 नोव्हेंबर 2025 दिसा मेरेन लागू उरतलो.

राज्यभरात स्वयंरोजगार आणि उद्योजकीय उदरगतीक चालना दिवपा खातीर एक चैतन्यशील, समावेशक आनी फुडाराक तयार उद्योजकीय परिसंस्था तयार करपा खातीर मुखेल येवजण मुख्यमंत्री स्वयं रोजगर येवजण (MSRY) ही मुखेल येवजण सरकारान अधिकृतपणान सुरू केल्या. ह्या महत्वाकांक्षी उपक्रमाचें फुडारपण राज्याचें मुखेल विकास म्हामंडळ ईडीसी लिमिटेड, भारतीय उद्देजक विकास संस्था (EDII) – गोवा केंद्रा वांगडा धोरणात्मक भागीदारीत करता. नवोपक्रम, उद्देग निर्मिती आनी थळाव्या रोजगार संदींक चालना दिवन गोंयच्या सगळया तालुक्यांतल्या तरणाट्यांक, शिक्षकांक आनी नागरिकांक संवेदनशील करप, शिक्षण दिवप, मार्गदर्शन करप आनी सशक्त करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. MSRY उपक्रम स्वयंपूर्ण गोंय राज्याच्या व्यापक उद्दिश्टां वांगडाच राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020, स्टार्टअप इंडिया आनी आत्मनिर्भर भारत अभियान अशा राष्ट्रीय चौकटीं कडेन सुसंगत आसा.उक्तावण कार्यावळीत उलयताना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी भर दिलो की, “उद्योजकता हो गोंयचो फुडार.मुख्यमंत्री स्वयंसेवक रोजगार  येवजणे वरवीं आमी फकत नोकऱ्यो निर्माण करिनात – आमी रोजगार निर्माण करतात.ह्या उपक्रमाक लागून आमचे तरणाटे, शिक्षक आनी समाज उदरगत, नवनिर्माण आनी आत्मनिर्भरता हांच्या कल्पने कडेन पळोवपाची पद्दत बदलतली”, अशें तांणी सांगलें.

आधार  कार्ड, दिव्यांग प्रमाणपत्र, दयानंद  सामाजिक  सुरक्षा  वळखपत्र  वा  घर नाशिल्ले बाबतीत एका दिव्यांग  बायले विशीं  खबरांपत्रांनी  छापून  आयिल्ल्या  बातमी  उपरांत संबंदीत अधिकाऱ्यांनी वस्तुस्थिती जाणून घेवपा खातीर  कमला वसंत नाईक उर्फ कमलावा

मलप्पा मेगेरी हांच्या घराक भेट दिली. ती घर क्रमांक 1141, सेगुंद बायरो, कलापूर, हांगा रावता.

आयज अधिकाऱ्यांनी तीच्या घराक दिल्ल्या भेटीवेळार कमला हांचेकडेन आधार कार्ड आशिल्ल्याचे दिसून आयले, पुण आधार नंबर सक्रिय मोबायल नंबराक लिंक नाशिल्लो. अधिकाऱ्यांनी पोर्टेबल डिव्हाइस वापरून बायोमेट्रिक पडताळणी वरवी वैध मोबायल नंबराक लिंक करून आधार अपडेट करपाक तीका मजत केली.

कमला नाईक हांचेकडेन समाज कल्याण संचालनालयान जारी केल्ले ज्येश्ठ नागरिक बायोमेट्रिक कार्ड, अन्न आनी नागरी पुरवण खात्याचे रेशनकार्ड, मतदार वळखपत्र आसा. तशेंच बीएलओन तीचो एसआयआर तपशील घेतला. तीचे कॅनरा बँकेत खाते आसा, जे सक्रिय करपाची गरज आसा.

भारतीय पत्रकारिता मंडळाच्या स्थापनेच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस मनयतात. राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसानिमतान 17 नोव्हेंबराक सकाळी 10.00 वरांचेर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यावळीचे आयोजन केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव सरप्रित सिंग गील कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे आसतले. ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार आनी नामनेचे व्यंगचित्रकार आलेक्सी फर्नांडिस हांका जीणेगौरव पुरस्कार भेटयतले. तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार ज्योईल आफोंस (द गोवन एव्हरीडे), जय नाईक (तरूण भारत), अतुल पंडित (भांगरभूंय), बबन भगत (नवप्रभा), नंदेश कांबळी (नवहिंद टायम्स) हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर सत्कार करतले. तशेंच फोटो सर्तीच्या जैतीवंतांक इनामां भेटयतले.

द फेस्टिवल मॅन ऑफ गोवा', 'ह्या नांवान वळख आशिल्ल्या फेस्टिवल निर्माता मारियस फर्नांडीस हाच्या असामान्य प्रवासाची वर्णन करपी भावनीक प्रायोगिक डॉक्यू-मॉटेज फिल्म मेराकी, बाय द सी 56व्या आंतरराष्ट्रीय फिल्म फेस्टिवल म्हल्यार इफ्फित गोंय विभागांत अधिकृतपणान वेंचून काडला. 37 मिनटांचो इंग्लीश-कोंकणी चित्रपट ह्या निर्मात्याची श्रद्धा आनी ताच्या खाशेल्या जिणेच्या तत्वगिन्यानाचो सोद घेता, जो भौशीक महोत्सव घडोवन

हाडपाच्या ताच्या अभिनव कल्पने वरवीं गोंयची संस्कृताय आनी दायज पुनरुज्जीवित करपाक यत्न करता. हिमांशु सिंग हाणी  दिग्दर्शीत आनी डॉ. ग्वेंडोलीन डी ऑर्नेलास हांणी निर्मिती केल्ल्या मेराकी 'बाय द सी' ह्या सिनेमाचें शुटींग गोंयच्या चैतन्यशील गांवांनी आनी दर्यादेगानी जालां आनी गोंयच्या संस्कृतायेचें संगीत, कला आनी समाजीक भावनेक  आकर्षित करतांची खरी भावना व्याख्या करता.

उत्तर गोंयच्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान सकाळीं 10:00 ते रातीं 10:00 मेरेन सगल्या जड मालाची वाहनां आनी सांडपाणी टँकरांची येरादारीक  बंदी घाल्या. ग्राम पंचायत कांदोळीच्या मर्यादेंत, बार्देज, शिमेर हांगा जामबळेश्वर देवळासावन सिंकेरी मेरेनचो रस्तो, सायपेम हांगाच्या हिल्टन हॉटेला ते कांदोळी टिटो मेरेनचो रस्तो, नेरुल पुलासावन आबा दे फारिया, कांदोळी मेरेनचो रस्तो, हांगा  उदका टँकर सोडल्यार, हेर गरजेच्यो वस्तू दिवपी टँकर सोडल्यार ही बंदी आसा. उपभोग्य  माल व्हरपी जड मालाची गाडयो दीसभर रस्त्या कुशीक उबी दवरील्यान येरादारीची गचमुद्डी जावपाची परिस्थिती निर्माण जाले उपरांत ही अधिसुचोवणी जारी केल्या.

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशावरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळयां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापक , लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, घर, इमारत, फ्लॅट मालक, निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय.तशेंच मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती पुलीस खात्यान तयार केल्ल्या पथीक-PATHIK ह्या सॉफ्टवेरांत नोंद करपाक जाय. भाडेकारांची म्हायती  लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध  करची.तशेंच उत्तर गोंयांतल्या सगळया राष्ट्रीयकृत बँकाच्या प्रमुखांनी आपल्या एटीएमांनी सुरक्षा रक्षक नेमपाक आनी सीसीटव्ही कॅमेरे लावपाक सांगला. हो आदेश फाटी घेतलो ना जाल्यार फुडल्या 60 दिसांच्या काळाखातीर लागू उरतलो.

झेवियर सेंटर ऑफ हिस्टोरिकल रिसर्च XCHR परवरी, 2025 वर्सा खातीर वर्सुकी XCHR गोंय हिस्ट्री क्विझ सर्तीची बारावी आवृत्ती घडोवन हाडटा. प्राथमीक परिक्षा शेनवारा, 15 नोव्हेंबराक सेंट ब्रिटो हायस्कुल, मापसा आनी लोयोला हायस्कुल, मडगांव जातली.

कुचबिहार करंडक १९ वर्सा सकयल्या क्रिकेट सर्तीत छत्तीसगड आड पयल्या खेळा खातीर गोय्चो 17 सदस्यीय पगड जाहीर जाला. अष्टपैलू यश कसवणकर हाका कर्णधार म्हण वेचला १६ ते १९ नोव्हेंबर राय्पुरात हो खेळ जातलो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले आणि धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला